Panaji Regional 2nd June 2026 7.25am

Ganesh

राना आनी पर्यावरण खात्याचे मंत्री भूपेंद्र यादव हांची भेट घेत हरीत वाठार तशेच शाश्वत उदरगतीचेर चर्चा केली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली. दिल्लीत मुखेलमंत्री हेर केंद्रीय मंत्र्यांच्यो भेटी घेवपाचे आसा. चार दिसां पयली मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी कुटुंबा सयत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तशेच हेर केंद्रीय मंत्र्यांच्यो भेटी घेतिल्ल्यो. चार दिसा उपरान परतून ते दिल्लीक गेले.

इतले मजगती प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हे लेगीत दिल्ली आसा. राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन, सरचिटणीस बी. एल. संतोष हांचे लागी पक्षाच्या संघटणात्मक वावराविशी बसका जातली, अशी म्हायती दामू नायक हांणी दिली.

---

केंद्रीय वेचणूक आयोगान एसटी म्हळ्यार अनूसूचित जमाती खातीर २०२७ विधानसभा वेचणूकेंत आरक्षण लागू करचें, अशी मागणी भारतीय जनता पक्षान मुखेल निर्वाचन आयोगाकडेन केल्या. हे फाटभूयेर भाजपाच्या शिष्टमंडळान काल मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यांची भेट घेवन आरक्षणाचे प्रक्रीयेक गती दिवची अशी मागणी केली. ह्या वेळार भाजपाचे मुळाव्या कमिटीचे वांगडी गोविंद पर्वतकार, एसटी मोर्चाचे अध्यक्ष आनी झेडपी वांगडी मोहन गांवकार, झेडपी वांगडी अंजली वेळीप, धाकू मडकयकार, पुंडलीक रावत देसाय, सिध्दार्थ कुंकळेकार आनी शुभम म्हापसेकार हजर आशिल्ले. केंद्रान हें आरक्षण सगळ्या राज्यांनी लागू केलां आनी हे विशींचें विधेयक संसदेंत समंत जावन गोंय विधानसभेंत ह्या विधेयकाक तेंको दिवपी थाराव लेगीत घेतला, अशें पर्वतकार हांणी सांगलें. मुखेल निर्वाचन अधिकाऱ्याक निवेदन दिल्या उपरांत तांणी सगळी प्रक्रीया पुराय जाल्या अशी म्हायती दिल्या अशे पर्वतकार हांणी सांगले. इतलेमजगती गोंय विधानसभेंत एसटी सीट आरक्षणाची अंमलबजावणी केंद्र सरकार आनी भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या फुडल्या निर्देशांचेर आदारून आसा अशें मुखेल वेंचणूक अधिकारी आनी वेंचणूक सचीव संजय गोयल हांणी सोमारा सांगलें.

-------------------------------------------

कोंकण रेल्वे पुलीस अधीक्षक शेखर प्रभुदेसाय हांचे कडेन दक्षिण गोंय आनी कुशावती जिल्हयांचे पुलीस अधीक्षक म्हूण प्रभारी ताबो दिला. पुलीस महानिरीक्षक के.आर.चौरसिया हांणी काल ही ओर्द काडल्या. दक्षिण गोंय आनी कुशावती जिल्हयांचे पुलीस अधीक्षक संतोष देसाय हे 31 मे ह्या दिसा पुलीस सेवेंतल्यान निवृत्त जाले. तांचेकडेन आशिल्ल्या पदांचो ताबो प्रभुदेसाय हांचे कडेन दिला. कोंकण रेल्वे पुलीस अधीक्षक शेखर प्रभुदेसाय हे आयपीएस कॅडर अधिकारी आसून तांणी आदीं दक्षिण गोंयचे पुलीस अधीक्षक म्हूण काम सांबाळां.

---

Mahila Digital Shashaktikaran येवजणेची कार्यावळ हालीच पर्वरी सुकुर पंचायतीतत जाली. म्हायती, तंत्रगिज्ञान, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी संचारण खातें आनी इन्फो टेक कॉर्पोरेशन ऑफ गोवा लिमिटेड वरवीं ही येवजण चालीक लायल्या. बायलांक डिजिटल साक्षरता आनी मुळावें संगणक प्रशिक्षण दिवप, डिजिटल सेवा वापरपाक आत्मविस्व वाडोवप, तंत्रगिन्यानाचो सुरक्षीत वापर आनी शिक्षण, रोजगार आनी वैयक्तीक उदरगती खातीर संद हो ह्या उपक्रमाचो हेतू आसा.

"ही फकत एक येवजण न्हय, तर डिजिटल अंतर भरून काडपाची एक चळवळ. शारी केंद्रांतल्यान आसूं वा गांवगिऱ्या गांवांतल्यान आसूं, दरेक बायलेक गोंयच्या डिजिटल अर्थवेवस्थेंत वांटो घेवपाची कुशळटाय, आत्मविस्वास आनी प्रवेश मेळचो हाची खात्री करपाच्या हेतान ही येवजण राज्य सरकारान चालीक लायल्या अशे हे विंशी उलयतना म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हाणी सागंले.

ही येवजण 18 वर्सां आनी वयर पिरायेच्या गोंयच्या बायलां खातीर उक्ती आसा. ती अस्तुरि उण्यांत उणीं 15 वर्सां राज्यांत रावपी आसपक जाय. आतां मेरेन पर्वरी आनी दिवचले प्रशिक्षण सत्रां जाल्यांत. सुमार 115 बायलांन ह्या कार्यावळीत वाटो घेतला. हे येवजणे खाला बाणास्तारी, सांखळे, चोडण आनी पेडणे प्रशिक्षण सत्रां जावपाची आसात.

Weather -

गोंयात मान्सून बेगीनूच दाखल जातलो म्हणपाचे वेदशाळेत कळीत केलां. 2 ते 7 जून ह्या काळांत राज्यांत गडगडाटा सयत पावसाची शक्यताय आसा. 3 ते 5 जून ह्या काळांत पावसाची येलो अलर्ट जारी केल्या. सद्या आमी पूर्व-मान्सून पांवड्यार आसात. हो transition पांवडो आशिल्ल्यान हवामानांत खूप बदल जाणवता अशी म्हायती भारतीय हवामान विभागाचे वैज्ञानिक आणि मुखेली नहुष प्रकाश कुलकर्णी हांणी दिल्या. पूर्व मान्सून पावड्यार हवामानात आर्द्रता वाडिल्ल्यान खूप गर्मी जाता. हाकालागून लोकांक दनपारां, सांजवेळार तशेंच रातीकडें खूप गर्मी सोंसची पडटा. फुडले १ ते २ दिस परीस्थिती  अशीच उरतली म्हणपाचे वेदशाळेन कळीत केला.

Sports –

एसएजी म्हापसा पंगडान राज्य पांवड्या वयली वेटलिफ्टिंग सर्तीत सांघीक वस्तादपण मेळयलें जाल्यार एसएजी कांपाल पंगडाच्या गोरक्षनाथ वाईफळकराक आयर्न मॅन किताब फावो जालो. सर्त म्हापर्शेच्या शिमेर -खोर्ली जाली. लेटलिफ्टिंग असोसिएशन ऑप गोवान खेळां प्राधिकरणाच्या सहकार्यान सर्तीचें आयोजन केल्लें.